# सांगेकारांचे प्रश्न सोडवपाक सरकार  कटिबद्ध आसा : मुख्यमंत्री

ता. 10 मे 2022

सांगेकारांच्यो सगळ्यों अडचणी आनी  प्रस्न सोडोवपाखातीर सरकार कटिबद्ध आसा. वेंचणूकेउपरांत सांगे मतदारसंघात आयोजीत सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम हे त्या दिकेन पयले पावल आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. म्हणाले. सांगे मतदारसंघ भुगोलिक दृश्टीन व्हड आशिल्ल्यान हो कार्यक्रम दोन दिस चलतलो, अशें डॉ. सावंत हांणी जाहीर केले.

सरकारी हायस्कूल, नेत्रावळी हांगा सांगे मतदारसंघाखातीर आयोजीत सरकार तुमच्या दारी - सरकार तुमच्या दारांत ह्या  कार्यक्रमाचे उक्तावण केले उपरांत मुख्यमंत्री उलयताले.

फुडें उलयताना डॉ.सावंत हांणी सांगले, सरकार सदाच सांगेच्या लोकांफाटल्यान आसून सर्वांगीण विकासाच्या बाबतीत ह्या मतदारसंघाचेर कसलोच अन्याय जावचो ना.  ह्या मतदारसंघाक विकासाच्या मुखेल प्रवाहात हाडपाखातीर  सगळें तरेचे यत्न जातले. लोकांची गैरसोय जावची न्हय हे खातीर  तालुका पांवड्याचेर अधिकाऱ्यांची नेमणूक  जातली. सांगे मतदारसंघात आदिवासी लोकांचो चड आसपाव आसा आनी सगळ्यां सरकारी येवजणांचो लाव तांचेमेरेन पावोवपाक  सरकार कटिबद्ध आसा. लोकांचे रानां हक्क दावे निकालात काडपाखातीर सरकाराचे यत्न आसा. सरकारामुखार 10,000 रानां हक्क दावे आसून  सांगे म्हालातल्या 136 लोकांक सनद जारी केल्ल्यो आसात, अशी माहिती तांणी दिली. तशेंच हेर जमनीचेय प्रस्न सोडोवपात येतले, अशें तांणी सांगलें.

सरकाराक  राज्यातल्या प्रत्येक मनशाची काळजी आसा आनी तांचे प्रस्न सोडोवपाखातीर सरकाराचे प्रयत्न आसा. सरकार तुमच्या दारी हो कार्यक्रम वेंचणूकेपुरतोच नाशिल्लो जाल्यार तो फुडें पाच वर्सां चालू उरतलो.  चडांत चड

सरकारी सेवा आनी येवजणो लोकांच्या दारामेरेन पावोवपाचो हो उपक्रम आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

प्रत्येक व्यक्तीक लायट, संडास, उदक, स्वतःचे घर तशेंच आर्थिक आनी समाजीक सुरक्षाय मेळपाक जाय. प्रत्येक गांव स्वयंपूर्ण जावपाक जाय आनी त्याखातीर सरकार, अधिकारी आनी लोकांनी एकवटान प्रयत्न करपाची गरज आसा. सरकारी येवजणांचो लाव घेवन लोकांनी स्वयंपूर्ण जावचे. मतदारसंघातल्या लोकांक आपरोजगाराच्या माध्यमातल्यान रोजगार उपलब्ध करून दिवपाखातीर सरकाराचे प्रयत्न आसा. सरकाराच्यो सुमार 121 येवजणो ऑनलाइन उपलब्ध आसात. मतदारसंघातली इंटरनेट कनेक्टिव्हिटीची समस्या रोखडीच सोडोवपात येतली, अशेंय तांणी सांगलें.

समाजकल्याण मंत्री श्री.सुभाष फळदेसाई हांणी समाजातल्या निमाण्या नागरिकामेरेन सेवा उपलब्ध करपाखातीर सरकार काम करता. सांगे मतदारसंघात आयोजीत केल्लो सरकार तुमच्या दारी कार्यक्रम ताचोच भाग आसा. सांगे मतदारसंघ हो भुगोलिकदृष्ट्या व्हड आसा आनी तो चड करून गांवांनी वसला. गांवच्या लोकांच्यो गरजो पुर्ण करपाक सरकार वावर करता. लोकांक लायट, उदक मोबाईल नेटवर्क, शिक्षणीक सुविधा, रस्त्यांचे जाळे आनी हेर पायाभूत सुविधा उपलब्ध करपाक सरकाराचे यत्न आसात. रानां हक्क, साळावली धरणग्रस्तांचे प्रस्न सोडोवपाखातीर प्रयत्न चालू आसात, अशेंय तांणी सांगलें.

इको टुरिझम येवजणेखाला साळावली धरणासकयल्या बोटॅनिकल गार्डनाचो ३५ कोटी खर्च करून विकास करपात येतलो. पर्यटकांक सुविधा दिवपाखातीर 40 कॉटेजीस उबारपाची येवजण आसा. मतदारसंघात रोजगाराच्याय संदी निर्माण करपाखातीर प्रयत्न चालू आसात. अशें तांणी सांगलें.

सांगेच्यो नगराध्यक्ष श्रीमती श्वेता नाईक तारी; आदले आमदार श्री वासुदेव मेंग गावकर; दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती रुचिका कात्याल आनी पंचायतींचे सरपंच आनी पंच ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

लोकांच्या सोयीखातीर 38 खात्यांनी आपली सेवा उपलब्ध केल्ली आसून मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं कोविड अनुदान लाभार्थी, अल्पभूधारक कामगारांखातीर मदत, अटल आसरा येवजण, गगन भरारी शिक्षण येवजण, कृशी कार्ड, हस्तकला कारागीर, वळखपत्र, ई-श्रम कार्ड आदींचे वाटप करपात आयले.

जिल्हा पंचायत सदस्य श्री सुरेश केपेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री जितेंद्र नाईक हांणई कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. राजेश गावकर हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/340

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji